17.02.2025 regional @ 7.25 am

नमस्कार आकाशवाणी पणजीच्या प्रादेशिक खबरा

NAREDCO संघटनेची वार्शीक सर्वसाधारण सभा आयज पणजेत सिदादादी गोवा ह्या हाटेलात जाली.ह्यावेळार 200 बिल्डर्सानी वाटो घेतील्लो.गोयांत घरा बांधपाक, हाॅलीडे होम, वेवसायिक ,तशेंच रीटेल मळावेल्या रीअल इस्टेट वेव्हारावीशी ह्यावेळार भासाभास जाली.गोयांत आशील्या जमीनीत रीअल इस्टेट वेवसायिकाच्या जोडपालवान बरे प्रकल्प हाडपाक काम करपाक संद आसा अशे मत ह्यावेळार मानेस्तिंनी उक्तायले. ह्यावेळार गोंय पुर्नवसन म्हामंडळाचे सचीव एलेक्सीयो डीकोस्टा हांणी वास्को,कोलवाळ,हांगा पुर्नवसन करून रीते जाल्या सुवातीत परवडपी मोलात घरा बांधपाचो प्रकल्प येवपाक संद आसा अशे म्हणला,जाल्यार गोंय हावसिंग बोर्डाचे सचीव सदाशीव गांवकार हांणी हावसिंग प्रकल्प येवपाक उत्तर आनी दक्षिण गोयात सरकिराकडे आशील्ल्या सुवातींची म्हायती दीली.ह्यावेळार Naredco चे राश्टीय उपाध्यक्ष राजन बांदेलकार हांणी गोंयात घर आसप हे खुप जणाचे सपन आसा,ताका लागुन गोंयात रीअल इस्टेट वेवसायाक बरी संद आसा अशे म्हणले.

---------------------------------------

सबलेट केल्ल्या उत्तर गोंयच्या शॅक धनयांक नोटीसा जारी केले उपरांत आतां पर्यटन खात्या वतीन दक्षीण गोंयच्या शॅकांचीय तपासणी जातली. खास पंगड कागदपत्रां तशेंच कर्मचाऱ्यांची चवकशी करतलो. पर्यटन संचालक केदार नायक हांणी ही म्हायती दिली. उत्तर गोंयच्या शॅक्सांची तपासणी पुराय जाल्या. उत्तरेच्या २५५ मदलीं १०८ शॅकां मूळ धनयांनी दुसऱ्यांक चलोवपाक दिल्ल्याचें स्पश्ट जालां. हातुंतल्या २५ शॅक धनयांक नोटीसो जारी केल्यात. तांणी लेखी जाप दिले उपरांत खात्या वतीन २६ ते २८ फेब्रुवारीक प्रत्यक्ष सुनावणी जातली. पर्यटन खात्याचे पंगड आतां दक्षीण गोंयच्या शॅक्सांची तपासणी करतले.

---------------------------------------

ब्रिटीश पर्यटक डॅनियली मॅकलॉग्लीन खून प्रक़रणातलो दुबावीत विकट भगत खून खटल्याचो निकाल मडगाव सत्र न्यायालयात आज जावपाची शक्यताय आसा

ल्हान भुरग्या खातीर आशिल्या दुसऱ्या बुलबुल आंतरराष्ट्रीय बाल चित्रपट महोत्सवाचे उक्तावण  मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांचे हस्तुकी जातले
मुक्काम पोस्ट बोंबिलवाडी या मराठी चित्रपटान ह्या महोत्सवाची  सुरवात जातली.

----------------------------------------

गोंय उद्देगीक उदरगत महामंडळ (गोवा-आयडीसी) क प्रतिश्ठीत 'गव्हर्नन्स नाव वेस्ट टेक सिम्पोझियम आनी अवॉर्ड्स २०२५' मेळ्ळो. गोवा-आयडीसीचे चेअरमन आलेक्स रेजिनाल्ड लॉरेन्स हांकां नामनेचो सीएमडी लीडरशिप अवॉर्ड भेटयलो. बरें नेतृत्व आनी गोंय-आयडीसींतलें प्रशासन आनी तांत्रिक सुधारणांनी म्हत्वाच्या योगदानाची दखल घेवन तांकां हो पुरस्कार भेटयला.
श्लॉरेन्स हांच्या नेतृत्वा खाला गोंय-आयडीसीन प्रगतशील उद्देगीक धोरण, वेवसायसुलभते खातीर विवीध मान्यताय प्रक्रियांचें सुलभीकरण करप आनी शाश्वत उद्देगीक उदरगती खातीर अनुकूल वातावरण निर्मिती केल्या. उद्देगीक मळार प्रशासनांत नवे उपक्रम, कार्यक्षमताय, उदरगत आनी उत्कृश्ठताये खातीर महामंडळाच्या समर्पण ह्या गजालींचेर ह्या पुरस्कारां वरवीं उजवाड घाला.
ह्या वेळार आलेक्स रेजिनाल्ड लॉरेन्स हांणी सांगलें, गोंय- आयडीसीन उण्या वेळांत कर्जमुक्त महामंडळ जावन एक तोखणाय करपा सारको टप्पो पुराय केला. ह्या येसाक लागून आमकां गोंयच्या विवीध उद्देगीक वसणुकांनी मुळाव्यो सुविधा हाडपाक १०० कोटी रुपयां परस चड गुंतवणूक करपाक सक्षम केलां. महामंडळान सादर केल्लें ओपन पोर्टल हें अशे तरेचें पयलें डिजिटल भौशीक सेवाउत्पादन म्हणून वळखतात. ह्या पोर्टलाक लागून राज्याच्या उद्देगीक मळार पारदर्शकताय, कार्यक्षमताय आनी वेवसाय करपाची सुलभताय वाडोवन उद्देगीक प्रशासनांत क्रांती जातली. उद्देगीक उदरगत चालीक लावपा खातीर, गुंतवणूक आकर्शीत करपा खातीर आनी गोंयचे अर्थीक परिस्थिती बळीश्ट करपा खातीर आमची वचनबद्धताय कायम आसा, अशें तांणी सांगलें.

----------------------------------------

'इंत्रुझ' हो पांच दिसांचो एक आगळोच उत्सव डोंगरी गांवांत सांस्कृतीक कार्यावळींनी सुरू जालो.  गोंयच्या डोंगरी गांवांत पांच दिसांचो उत्सव सुरू जाला, जातूंत गांवांतल्या धर्मीक समाजांतले लोक एकठांय येवन उत्सवांत वांटो घेतात.थळाव्या गांवकारांच्या मतान 'इंत्रुझ' हो सण पुराय राज्यांत एकमेव परब आशिल्ल्यान डोंगरी गांवाक एक  वेगळपण  आसा.डोंगरीच्या रहिवाशां खातीर हो

उत्सव भाताची पिकावळ म्हण मनयतात. वेगवेगळ्या दिसांनी मिरवणूक काडतात आनी गांवांतल्या पांच मंडपांतले दरेक पंगड मिरवणुकेचे फुडारपण करतात.ह्या उत्सवाचें मुखेल आकर्शण म्हळ्यार थळाव्या लोकांनी केल्लो पारंपारीक वाद्यांचो उपेग तातूंतले 'सुवारी वदान' फामाद .

---------------------------------------

आयुष मंत्रालयान २०२५ वर्साच्या आंतरराष्ट्रीय योग दिसाच्या आवृत्तीखातीर प्रतिष्ठित प्रधानमंत्री योग पुरस्कारांखातीर नामांकना उघडपाची घोषणा केल्या हे पुरस्कार राष्ट्रीय आणि आंतरराष्ट्रीय स्तरार योगाच्या प्रचार आणि विकासात महत्त्वपूर्ण आणि शाश्वत योगदान दिवपी व्यक्ती आणि संस्थांक दितात.
प्रधानमंत्री योग पुरस्कारांचे उद्दिष्ट या क्षेत्रात अनुकरणीय योगदानाचे कौतुक करप, रोग प्रतिबंधक, भलायकी संवर्धन आणि जीवनशैलीशी संबंधित विकारांच्या व्यवस्थापनात योगाची भूमिका अधिक मजबूत करप आसा. हे पुरस्कार राष्ट्रीय व्यक्ती, राष्ट्रीय संघटना, आंतरराष्ट्रीय व्यक्ती आणि आंतरराष्ट्रीय संघटना श्रेणींत प्रदान करतले. प्रत्येक विजेत्याक ट्रॉफी, प्रमाणपत्र आणि २५ लाख रुपयांचो रोख पुरस्कार मेळतलो.
अर्ज करपी व्यक्तींचे वय ४० वर्सा वा त्याहून अधिक आसुंक जायआणि योग प्रचारात किमान २० वर्सा समर्पित सेवा आसची. अर्ज आणि नामांकना या वर्सा ३१ मार्च वा ताचे आदी MyGov प्लॅटफॉर्मा वरवी सादर करपाक मेळतली.

---------------------------------------

फाटल्या १० वर्सांत आदिवासींच्या सर्वांगीण विकासाखातीर खुपशी प्रभावी पावला उखलल्यात हाचेर राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी उजवाड घालो. काल नवी दिल्लीत आदि महोत्सव २०२५ चे उक्तावण करताना राष्ट्रपती मुर्मू हांणी म्हणले की, देशातल्या आदिवासी लोकांच्यो परंपरा आणि राहणीमान देशाच्या संस्कृतीक समृद्ध करता.

---------------------------------------